

# || अथ श्रीसाईसच्चरीत || अध्याय २५ ||

|| श्रीगणेशाय नमः || श्रीसरस्वत्यै नमः || श्रीगुरूभ्यो नमः || श्रीकुलदेवतायै नमः || श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः || श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः || साईम्हाराज कृपासागर । साक्षात् ईश्वरी अवतार । पूर्णब्रह्म म्हान योगेश्वर । नमस्कार तांकां साश्टांग ||१|| जयजयाजी संतभुशणा । मंगलाधामा आत्मारामा । साईसमर्था भक्तविश्रामा । नमस्कार तुका पूर्णकामा ||२|| फाटल्या अध्यायांत निरुपण । फकांडां विनोद परिशिलन । मात हो साई भक्तीभावान । करता भक्तरंजन सदांच ||३|| साई परम दयामुर्ती । फकत जाय अनन्य भक्ती । भक्त श्रद्धाळू आनी भावार्थी । इत्सा धरप्यांचो ना उणाव ||४|| ''सद्गुरू तोच म्हजी मुर्ती'' । कृष्णान सांगलें [1]उद्धवाप्रती । असो सद्गुरू पुजचो प्रितीं । अनन्य भक्ती नांव तिचें ||५|| इत्सा जाली काळजांत । बरोवचें श्रीसाईंचें चरीत । लिला आयकुपा सारकी अदभूत । केली पूर्ण ती श्रीसाईंनी ||६|| नासतना अधिकार विद्वत्ता ज्ञान । पामराक ह्या दिवन उर्बा स्फुरण । घेतलो बरोवन ग्रंथ म्हज्या हातांतल्यान । दिवपाक जागृती भक्तांक आपल्या ||७|| ''दप्तर दवर'' असो आदेश । जालो अज्ञानी म्हजे सारक्याक । तेन्नाच म्हजे अल्प बुद्दीक । धैर्यविज्ञान संपन्नताय ||८|| तेन्नाच म्हाका आयलो धीर । की हो साई गुणगंभीर । दवरून घेतलो आपलें दप्तर । उद्धारा खातीर भक्तांच्या ||९|| ना जाल्यार हो [2]वाग्विलास । आसलें व्हय म्हाका हें धाडस । संतचरण-प्रसाद पायस । चरीत अमृतरस हो असो ||१०|| ही साईचरीत रुपांत । पियेवपाची

१. उद्धवाक. २. उतरांचो खेळ.

वेवस्था भक्तांक कथामृत । साईकृपेन पोटभर पियेयात । करात शांत संवसाररुपी हुलपाक ॥११॥ चरीत न्हय हो [१]सोमकांत । साईकथा चंद्र अमृत सोडीत । भक्त चकोर तानेन तळमळत । जावचे तृप्त पियेवन [२]मनसोक्त ॥१२॥ आतां मोगाळ श्रोतेजन । दुबाव सोडून एकाग्र मन । आयकात ह्यो [३]कलिमल दहन । कथा पावन साईंच्यो ॥१३॥ जडटकूच एकदां अनन्य निश्ठा । मागीर त्या भक्ताच्यो सगल्यो [४]अनिश्टा । निवारून पूर्ण करता इत्सा । दिता ताका धादोसकाय ॥१४॥ ह्याच अर्थाची एक कथा । दाखयतली साईंची भक्तवत्सलता । श्रोत्यांनी ती आदरान आयकतां । जातली खोस मनाक ॥१५॥ तरी आयकात लावन जीव । कथा ही आगळी अभिनव । येतलो परम अणभव । कशी दयेचो सागर गुरूमाय ॥१६॥ कथा जरी ही सामकी ल्हान । भोव अर्थपूर्ण अर्थबोधान । खीण एक दियात ध्यान । सरतलीं संकश्टा कुशीक ॥१७॥ अहमदनगरचे सुखेस्त । कांसार एक गिरेस्त । दामूअण्णा नांवाचे भक्त । चरणांचेर विस्वास जांचो श्रीसाईंच्या ॥१८॥ त्या परम भक्ताची कथा । खोस मेळटली आयकतां । भक्त रक्षणाची तत्परता । दिसतली प्रत्यक्षताय श्रीसाईंची ॥१९॥ रामनमीच्या वर्सुक्या उत्सवांत । व्हडलीं दोन निशाणां शिरडींत । दिसतात भोंवतना पुराय गांवांत । जाणटात लोक सगले ॥२०॥ तांचे मदलें एक [५]निमोणकरांचें । दुसरें ह्या दामुअण्णांचें । नेम हे तांचे कैक वर्सांचे । भक्ती प्रेमाचे अखंड ॥२१॥ दोग घरकान्नी दामुअण्णांक । पूत जावचो ही उमळशीक । काकुळट तेन्ना आयली साईंक । इत्सापुर्ती जाली तांची ॥२२॥ निशाणाची आंगवण केली । रामनमीच्या उत्सवांत पावयली । मिरवणुकीक सुरवात जाली । निशाण वर्साक थंयच्यान ॥२३॥ कोंड्या मेस्ताच्या घरांत । मिरवणुकीची

---

१. जाचेर चंद्राचें कीर्ण पडटकूच रस सुट्टा असो एक मणी. २. इत्सा पूर्ण जाय मेरेन. ३. कलियुगांतल्यो दुश्ट वान्सा.

४. वायट गजाली. ५. स. शंकरराव रघुनाथ देशपांडे म्हणल्यारूच नानासाहेब निमोणकर.

तयारी करतात । थंयच्यान मागीर वाद्यांच्या गजरांत । व्हरतात नाचयत निशाण ॥२४॥ मशिदीच्या तोंकांक दोनांय वटेन । भरपूर बंदेरां फोली लावन । महोत्सव करतात व्हड खुशालेन । आगळोवेगळो दर वर्सा ॥२५॥ तशेंच येतात थंय जे फकीर । वाडटात तांकां पोटभर । अशे तरेन रामनम थंयसर । मनयतात हे शेठ लोक ॥२६॥ त्याच ह्या दामुअण्णाची कथा । श्रोत्यांक नमळायेन सांगतां आतां । आयकून घेतल्यार प्रसन्न चित्ता । साईसमर्थताय प्रगट्टली ॥२७॥ मुंबयच्या तांच्या इश्टान । पत्र एक दिलें धाडून । लाभ मेळटलो दोन लाख खात्रेन । करुया असो धंदो आतां ॥२८॥ जोडुया दरेकीं लाख लाख । दोगूय आमी भागाक । जाप धाडपाची करात ताकतीक । धंदोय प्रामाणीक फायद्याचो ॥२९॥ कापूस भरपूर घेवया विकत । दर मेळटलो हातोहात । आनीक वेळ वगडावं नाकात । करचो पडटलो पच्छताप ॥३०॥ घालोवं नाकात ही [१]वेळ । अण्णांच्या मनांत जालो गोंदळ । विस्वास त्या इश्टाचेर प्रबळ । तरीय जायना विचार ठाम ॥३१॥ धंदो करचो वा ना करचो । गोंदळ अण्णांच्या मनाचो । उगडास केलो देवाचो । गोंदळ मनाचो सोडोवंक ॥३२॥ दामुअण्णाय गुरूपुत्र । बरयलें तांणी बाबांक पत्र । आमकां ना बुद्‌दी स्वतंत्र । तुमीच आदार आमचो ॥३३॥ सुकृद्‌दर्शनीं हो वेपार । करचो असो येता विचार । जातले तुमचे व्हड उपकार । सांगात जातलो लाभ काय लुकसाण ॥३४॥ पत्र बरयलें माधवरावांक । म्हणलें तें वाचून दाखयात बाबांक । दियात रोखडोच निरोप आपणाक । दिसता धंदो हो फायद्याचो ॥३५॥ दुसऱ्या दिसा सांजवेळार । पडलें माधवरावाच्या हातांत पत्र । तांणी व्हरून मशिदी भितर । दवरलें चरणांचेर श्रीसाईंच्या ॥३६॥ ''कितें शामा घाई कित्याक । कागद कसलो लायता पांयांक'' । बाबा तो नगरचो दामूशेट विचारूंक । सोदता तुमकां कितें

१. संद.

तरी ॥३७॥ ‘‘अशें कितें तरी तो बरयता । कसले बेत तो आंखता । दिसता मळबाक हात लायता । देव दिता तें नाका ॥३८॥ वाच वाच तार्चें पत्र’’ । शामान जें वाचलें सविस्तर । त्याच अर्थाचो मजकूर । दामुअण्णांचो अक्षरशा ॥३९॥ देवा, तुमी बसतात निश्चल । करतात भक्तांची खळबळ । मागीर जातकूच मनाची तळमळ । हाडटात चरणां कडेन ॥४०॥ कोणाक स्वता ओडून हाडटात । कोणाक पत्रां बरोवंक लायतात । भितरलो आशय पयलींच सांगतात । मागीर वाचून तरी घेतात कित्याक ॥४१॥ ‘‘आरे शामा, वाच वाच । म्हजेर कित्याक पातयेता बेठोच । हांव हो आपलो असोच । उलयतां जिबेर येता तें सहज’’ ॥४२॥ मागीर माधवरावान पत्र वाचलें । बाबांनी लक्ष दिवन आयकलें । कळकळून मागीर बाबा उलयले । ‘‘सुटल्या तकली त्या शेटीची ॥४३॥ धाड ताका जाप सडसडीत । विचार, कितें उणें आसा घरांत । राव समाधानान मेळटा ते भाकरेंत । पडूं नाका भकीक लाखाचे’’ ॥४४॥ शामाच्या पत्राची खिणाखिणा । वाटूच पळयताले दामूअण्णा । पत्र मेळटांच त्याच खिणा । वाचलें तांणी उगडून ॥४५॥ पूण वाचून ती जाप । दामूअण्णा निर्शेले साप्प । बाळगिल्ली तांणी व्हड आस । हुमटलो रूख ते इत्शेचो ॥४६॥ आतां लाख जोडचे । अर्दे कळंतरान रिणाक दिवचे । तातूंतल्यान आनीक लाख जोडचे । खोसयेंत रावचें शारांत ॥४७॥ असो आसलो तांचो बेत । सगलो गेलो मातयेंत । जावपाचें लखपती रातयांत । भंगलें तांचें सपन ॥४८॥ पत्र बरयलें तेंच चुकलें । बाबांनी हें कितें केलें । दोळ्यां मुखार ताट वाडिल्लें । खोंटावन उडयलें हांवेंच ॥४९॥ आसूं, त्या पत्रांत दामुअण्णांक । शामान अशेंय सुचयिल्लें एक । येवचें एकदां दर्शनाक । आसता अंतर काना दोळ्या मदीं ॥५०॥ अशें माधवरावांचें सुचीत । प्रत्यक्ष वचप दिसलें उचीत । कोणें सांगचें तातुंतूय

आसत हीत । घडये मान्यताय दितूय बी ॥५१॥ असो विचार करून मनांत । अण्णा पावले शिरडींत । चरण दर्शन घेतले उपरांत । बसले तेंकुनूच बाबांक ॥५२॥ हळू हळू पांय चेपीत । विचारपाचें नासलें धाडस जायत । अचकीत सुचलें मनांत । वांटो दवरचो बाबांचो ॥५३॥ मनांत म्हणलें श्रीसाईनाथा । करशात जर ह्या वेव्हारांत साह्यता । लाभाचो कांय वांटो ओंपतां । हाडून तुमच्या चरणांचेर ॥५४॥ मस्तकाक लायले साईचरण । दामूअण्णा बसले कांय खीण । संकल्प-विकल्प मनाचें लक्षण । वेपार चलताले भितरल्यान ॥५५॥ भक्तीन करचें [१]मनोरथ । ते नकळो खरो सुवार्थ । फकत गुरूकूच खबर शिश्याचें हीत । भविश्य भूत वर्तमान ॥५६॥ धरल्या जी इत्सा मनांत । कोणेंय कितलीय दवरूं गुपीत । साई समर्थ सगलें जाणटात । [२]अंतर्यामी पूर्ण ते ॥५७॥ जेन्ना कोणूय आपलें इत्शीत । साईचरणांचेर प्रेमान ओंपीत । पूर्ण विस्वासान आज्ञा मागीत । दाखयताले साई मार्ग तांकां ॥५८॥ हेंच तर तांचें निजव्रत । खबर आसलें भक्तांक समेस्त । जो जो अनन्य शरण येत । करताले संकश्टां पयस तांचीं ॥५९॥ गुरूच खरो माता-पिता । जल्मा जल्मांचो पाता-त्राता । तोच हरिहर आनी विधाता । करपी, करून घेवपी तोच एक ॥६०॥ भुरग्यान मागतकूच गोड गोडशें । आवय दिता बाळकडू इल्लेंशें । भुरगें आड्डूं वा रडूं जाय तशें । निर्णय प्रेमाचो असो हो ॥६१॥ बाळकडूची ती कोडसाण । योग्य वेळार दितली गूण । भुरगें नकळो तें लक्षण । मातेची खूण मातेक ॥६२॥ वांटो जरी दवरलो अण्णान । बाबा कितें भुलतले तातूंतल्यान । तांची प्रिती लाभा वीण । तत्पर हिताक भक्तांच्या ॥६३॥ मातीमोल जांकां धन भांगर । वांटो बिटो तांकां नासता खबर । संतांचे हे आसतात अवतार । फकत उद्धारूंक गरिबांक ॥६४॥ यम नियम शम दम संपन्न । माया दुस्वास दोश [३]विहीन । फकत

१. इत्सा, येवजण. २. मनांतलें वळखुपी. ३. नाशिल्ले.

[१]परानुग्रह हेंच प्रयोजन । जाची जीण तो 'संत' ॥६५॥ दामुअण्णांचो हो वांटो । मनांतल्या मनांत गुप्त जालो । बाबान प्रगट उपदेश केलो । आयकात तो आदरान ॥६६॥ जीवनमात्रांचें मनोगत । बाबांक सगलें ज्ञात । वर्तमान भविश्य भूत । जसो आंवाळो तळटा वयलो ॥६७॥ आपल्या भक्ताची भावी स्थिती । बाबांक आदींच कळटाली । कशी सादूरताय मेळटाली । बाबां कडल्यान ती आयकात ॥६८॥ ''म्हाका ना रे बाबा कसलीच जाण'' । दिली बाबांनी सुचोवणी प्रेमान । बऱ्या वेपाराची साईक ना जाण । शरमले अण्णा मनांत ॥६९॥ आयकून हें बाबांचें वचन । दामूअण्णांक पटली खूण । दिलो मनाचो संकल्प सोडून । बसले तकली घालून सकयल ॥७०॥ परत मनांत आयलो विचार । कसलो करूं दुसरो वेपार । तांदूळ गंव [२]भुसार । आयकात उत्तर बाबांचें ॥७१॥ पांच शेर तूं घेतलो । सात शेर परत दितलो । आयकून हीं उतरां वळखलो । पडलो लजेक अण्णा तेन्ना ॥७२॥ अशें खंयच कितेंच घडना । जें साईंचे नदरेक पडना । वयर सकयल कोणाच्या अंतर्मना । नदर तांची सगल्याक ॥७३॥ हे वटेन तांचो इश्ट । पडलो सामको विचारांत । गोंदळ व्हड ताच्या मनांत । उत्तरूय ना अण्णांचें ॥७४॥ तेन्नाच शेटीचें पत्र पावलें । घडिल्लें तें तातूंत बरयिल्लें । वाचून तांकां अजाप जालें । म्हणलें कर्मगती विचित्र ही ॥७५॥ कितलो बरो योग आसलो । स्वताच कित्याक ना विचार केलो । फुकट फकिराच्या नादाक लागलो । वगडावन बसलों लाभाक ॥७६॥ ''देव दिता कर्म व्हरता । जावपा सारकी बुद्दी जाता'' । असलो बरो धंदो आसतां । फकीर कित्याक जाय थंय ॥७७॥ वेव्हाराचेर सोडून उदक । दारादारांनी पोटाचे भरीक । पिशां वरी भोंवता भिकेक । ते कितें दितले सल्लो बरो ॥७८॥ आसूं, नासलें ताच्या नशिबांत । म्हणुनूच अशी सुचली बुद्द । दुसऱ्या कोणाक

१. दुसऱ्यांक. २. कड्डणांचो.

घेवचो भागाक । ‘‘[१]यद्भावि न तद्भावि’’ तें ।।७९।। जालें, अण्णा शांत बसले । आशिल्लें जाचें कर्म फुटिल्लें । तेंच ताच्या त्या इश्टाचें जालें । आयलें तपलें गळ्यांत ।।८०।। करपाक गेलो सट्टो । पूण ताचो दिसूच उरफाटो । ठोकर बसली जालो तोटो । कसो [२]बडगो फकिराचो ।।८१।। दामुअण्णा कितलो म्हजो । भाग्यवान व्हडलो शाणो । खरो गुणाचो साई ताचो । कितली माया भक्तांची ।।८२।। इश्ट म्हणून म्हज्या नादाक । लागल्यार पडपाचो लुकसाणेक । फकिरान त्या वाटायलो बावड्याक । कितली दृढबुद्दी ताची ।।८३।। फकांडां ताच्या पिशेपणाचीं । घमेंड आपल्या शाणेपणाची । जाली सगली फुकटची । अणभव होच मेळ्ळो ।।८४।। सोडून फकिराचे निंदेक । लागिल्लों जर ताचे भक्तीक । हांवूय पडचो नासलों लुकसाणेक । जागोवपाचो म्हाकाय तो वेळारूच ।।८५।। आतां आनीक एक कथा । सांगून आवरुया अण्णांच्या ग्रंथा । खोस जातली श्रोत्यांच्या चित्ता । कळटलें व्हडपण श्रीसाईंचें ।।८६।। पळयात एकदां अशें घडलें । गोंयच्यान एक पार्सल आयलें । कोणें तरी उंची आंबे धाडिल्ले । मामलेदार राळे ह्या नांवान ।।८७।। माधवरावांच्या नांवाचेर । बाबांच्या पांयीं जावचे सादर । म्हणून कोपरगांवांत स्विकार । जावन आयले ते शिरडींत ।।८८।। मशिदींत बाबां मुखार । उगडटकूच आंबे दिसले सुंदर । आशिल्ले मेजून तिनशां वयर । म्होंवाळ रसाळ घमघमीत ।।८९।। बाबांनी ती फळां पळयलीं । माधवरावां कडेन काडून दिलीं । तांणी चार कोळंब्यांत दवरलीं । बाकीचीं गेले घेवन ।।९०।। फळां पडटकूच कोळंब्यांत । बाबा तेन्ना कितें म्हणीत । ‘‘फळां तीं दामुअण्णा पासत । दवरात थंयच तशींच’’ ।।९१।। मागीर दोन वरां उपरांत । दामुअण्णा मशिदींत । आयले पुजा करपा पासत । घेवन साहित्य आपलें ।।९२।। आदीं घडिल्लें तांकां खबर नासलें । बाबा व्हडल्यान

१. ‘‘यद्भावि न तद्भावि, भावि चेन्न तदन्यथा’’ म्हणल्यार, घडपाचें ना तें घडचेंच ना. २. थोमणो.

उलोवंक लागले । ‘‘आंबे दाम्याचे न्हय ते आपले । खावपाक आशेल्यात लोक जरी ॥९३॥ जाचे आंबे ताणेंच घेवचे । कित्याक आमचे कोणाचे जावचे । जाचे आसत ताणेंच खावचे । वच्चें मरून खावन’’ ॥९४॥ प्रसादूच हो अशे भावनेन । अण्णान स्विकारलो सभावान । विपरीत अर्थान वच्चें न्हय भियेवन । अण्णा पूर्ण हें जाणटाले ॥९५॥ पुजा करून अण्णा गेले । परत येवन विचारपाक लागले । फळां हीं घरकान्नीक धाकले काय व्हडले । दिवचीं कोणाक तें कळना ॥९६॥ बाबांनी सांगलें दी धाकलेक । आठ भुरगीं येतलीं जल्माक । चार धुवो चौग पुतांक । ही आम्रलिला दितली जल्म ॥९७॥ पदराक ना म्हूण भुरगें । यत्न रातदीस करचे । साधुसंतांचें भजन करचें । मेळोवचे कृपा आशिर्वाद ॥९८॥ म्हणून साधुसंतांचो नाद । मेळोवपाक ग्रहप्रसाद । ज्योतिर्विद्येचो लागलो छंद । जाले ज्योतिशतज्ज्ञ स्वताच ॥९९॥ नशिबांत ना [1]संतान । हें ज्योतीश विद्येचें निदान । अण्णा आशिल्ले पूर्ण जाणून । बशिल्ले जावन निराश ॥१००॥ अशा वेळार हें आस्वासन । साईसंत मुखांतलें वचन । परत आस जाली उत्पन्न । समर्थ प्रसन्न जाल्ल्यान ॥१०१॥ अशे तरेन कालांतरान । बाबांचीं उतरां सत्य जावन । तांणी दिल्ल्या त्या आंब्याच्या प्रसादान । आयलें भुरगें जल्माक ॥१०२॥ जशें उलयले तशेंच घडलें । आपलें ज्योतीश निश्फळ थारलें । साईंचे बोल सत्य जाले । जल्मलीं भुरगीं उतरा प्रमाण ॥१०३॥ आसूं, ही तर वाणी साईंची । ते देहधारी आसतनाची । तरी राखली सासाय महिम्याची । देहत्यागा उपरांतूय ॥१०४॥ ‘‘जालों जरी गतप्राण । उतरां म्हजी मानात प्रमाण । म्हजीं हाडां थडग्यांतल्यान । दितलीं तुमकां आस्वासन ॥१०५॥ हांवूच कित्याक म्हजी [2]तुरवत । रावतली तुमचे कडेन उलयत । जे तिका अनन्य शरणागत । करतली संवाद तांचे कडेन ॥१०६॥ दोळ्यां आड हांव

१. भुरगें. २. थडगें.

वतलों । हुसको हो धरूं नाकात असलो । म्हज्या हाडांतल्यान आवाज येतलो । घडटलो संवाद तुमचे कडेन ॥१०७॥ फकत म्हजें करात स्मरण । विस्वासपूर्ण अंतस्कर्णांतल्यान । हातांनी चालूच दवरात भजन । जातलें तुमचें कल्याण ॥१०८॥ हे भक्तकाम कल्पतरू । समर्थ साई सद्‌गुरू । हेमाड तुमच्या चरणांक न अंतरूं । दया करात सगल्यांचेर ॥१०९॥ धांव पाव रे गुरूवरा । भक्तजनांच्या करुणाकरा । सुसेग ना ह्या संवसारा । धांवधपट्यो पुरो आतां ॥११०॥ आमकां मनमानी करप्यांक । संवसारांतूच घुसपटून रावप्यांक । विशयभोगांक संवकल्ल्यांक । आवरून वृत्ती करात अंतर्मूख ॥१११॥ ल्हारां वांगडा भरकटत । चल्ल्यात आमी भवसागरांत । दिवन वेळाप्रसंगार हात । करात आमकां भवनिर्मुक्त ॥११२॥ इंद्रियां मेळत तशीं धांवतात । वायट वागपाक प्रवृत्त जातात । स्वैर न्हंयक बांद घालात । नियंत्रणांत हाडात इंद्रियांक ॥११३॥ इंद्रियां नासत जर अंतर्मूख । आत्मो केन्नाच जायना सन्मूख । ताचे वीण कशें आत्यंतीक सूख । जातलो जल्म निरर्थक ॥११४॥ घरकान्न पूत सांगाती । कोणूच उपकाराक येनात अंतीं । एक तूंच निमाणचो सांगाती । सूख निर्मुक्ती दिवपी तूं ॥११५॥ सोडोवन कर्माकर्मांचें जाळें । कर एकदांचें दुख्खा वेगळें । उद्धार सगले दीन दुबळे । कृपाबळान हे म्हाराजा ॥११६॥ वादावादी हेर [1]अवकळा । कृपाबळान समूळ निर्दळा । जिबेक लागूं दी नामाचो [2]चाळा । सुनिर्मळा साईराया ॥११७॥ अशें दियात प्रेम मनाक । घालयात संकल्प विकल्पांक । विसर पडूं दी देह घर भानाक । घालयात म्हजें हांवपणूय ॥११८॥ घडूं दी तुमचें नामस्मरण । जावचें न्हय हेर स्मरण । येवचें मनाक थीरपण । जावचो न्हय स्पर्श चंचलपणाचो ॥११९॥ तुमी धरतकूच पोटा कडेन । सोंपतलें आमचें काळखी अज्ञान । सुखांत नंदतले तुमच्या उजवाडान । उणाव आसचो

---

१. दुर्दशा. २. संवय.

ना कित्याचोच ॥१२०॥ तुमी हे जे पिवयले । निजचरिताचे आमकां पेले । थापटून जे जागे केले । हें कितें पुण्य सामान्य ॥१२१॥ फुडल्या अध्यायांत आनीकूय गोड । पूर्ण जातले आयकुप्यांचे लाड । वाडटली साईचरणांची आवड । जातली श्रद्धाय घटमूट ॥१२२॥ आयलो एक भक्त दर्शनाक । सोडून आपल्या गुरूचरणांक । करतकूच नमस्कार साईपदांक । निजगुरू स्थानाक केलें दृढ ॥१२३॥ तशेच दुसरे एक ग्रहस्थ । गिरेस्त तरीय संकश्टांनी त्रस्त । आयले पूत घरकान्नी सयत । दर्शना खातीर श्रीसाईंच्या ॥१२४॥ कसो तांचो पूर्ण केलो हेत । मोडण्यान पिडीत तांचो पूत । केलो दर्शनानूच पिडा [१]निर्मुक्त । करून उगडास आदल्या दृश्टांताचो ॥१२५॥ म्हणून हेमाड साईंक शरण । करता श्रोत्यांक आदरान [२]विनवण । जावन साईकथा [३]प्रवण । करात सार्थक आयकल्ल्याचें ॥१२६॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । भक्त [४]अभिश्ट संपादनं नांवाचो हो पंचविसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

---

१. मेकळो. २. विनंती. ३. आसक्त. ४. इत्शीत वस्त दिवपी.